**बकरी ईदाच्या परबे वेळार एसओपीक पाळो दिवचो- मुख्यमंत्री**

ता. 27 जुलय 2020

राज्यांत 1 ऑगस्ट 2020 दिसा बकरी ईद परब मनयताना मुसलमान भावांनी सरकाराच्या कोवीड-19 विशींच्या एसओपीक पाळो दिवचो, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बकरी ईदाच्या तयारीचो नियाळ घेवपा खातीर अखील गोंय मुस्लिम जमात संघटनेच्या सदस्यां वांगडा घेतिल्ल्या बसकेत उलयताना सांगले.

बसकेक पुलीस महासंचालक श्री. मुकेश कुमार मिना, गोरवां सांबाळ खात्याचे संचालक डॉ. संतोष देसाय, गोंय मांस प्रकल्पाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ. आर. एच. प्रभूगांवकर आनी अखील गोंय मुस्लिम जमात संघटनेचे वांगडी हजर आशिल्ले.

अखील गोंय मुस्लिम जमात संघटनेच्या वांगड्यांकडेन उलयताना मुख्यमंत्र्यान तांकां गोरवां सांबाळ खात्यान घालून दिल्ल्या एसओपीक पाळो दिवपाक सांगले. एसओपीक पाळो न दिवप्यांचेर कडक कारवाय जातली. आयच्या ह्या संकटाच्या काळात नेमांक पाळो दिवन शांतीकायेन आनी मायेमोगान ईदाची परब मनोवया, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. मुख्यमंत्र्यान संघटनेच्या वांगड्यांच्योय सुचोवण्यों आयकुन घेतल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/415

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA